**5th April 2026** **6.30 p.m.**

नमस्कार, आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

**PM – Women Reservation**

गोय , केरळ, तमिळनाडू, कर्नाटक वा तेलंगना हांतूंतल्या खयचाच राज्याक लोकसभा सुवतो उण्यो जावच्यो ना हाजी जातनाय सरकार घेतलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां, लोकसभा नियंत्रणा कडेन संबंदीत आशिल्ले हुस्के न्हयकारून काल केरळमांतल्या तिरुवल्ला हांगा वेंचणुकेच्या रॅलीक मार्गदर्शन करताना ते उलयताले. लोकसंख्येचेर बरे नियंत्रण आशिल्ल्यान दक्षिण राज्यांच्यो लोकसभा सुवतो कमी जातल्यो अशी चुकीची म्हायती पातळटा. तांच्या प्रतिनिधीत्वाची राखण करपा खातीर सरकार कायदेशीर हमी दितलें अशें तांणी आश्वासन दिलें.

लोकसभा आनी राज्य विधानसभांनी बायलांक 33 टक्के आरक्षण दिवपा खातीर 2023 वर्सा केल्लो कायदो 2029 वर्सा सावन चालीक लावपाक मेळचो म्हणून संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन १६, १७, आनी १८ एप्रिल मेरेन वाडयलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां

**Crude oil import**

इराणा सयत 40 परस चड देशांतल्यान कच्चें तेल आयात करता आनी इराणी कच्च्या तेलाची खरेदी करपाक फारीकणीचे प्रस्न नात अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलां. वादिनारांतल्यान इराणी कच्चो तेल म्हाल फारीकणीच्या समस्यांक लागून चीनांत वळयलो अशें सांगपी अहवाल आनी सोशल मिडियाचे दावे हरदीप सिंग पुरी न्हयकारले. अशा अहवालांक ताणें तथ्यात्मक नदरेन चुकीचे अशें म्हणलें. अस्तंत आशियांत पुरवण खंडीत जाल्ल्यान भारतीय शुध्दीकरण कंपनींनी इराणा सयत जायत्या स्त्रोतां कडल्यान कच्च्या तेलाची गरज येसस्वीपणान हातासल्या अशें तांणी मुखार सांगलें.

**Sadhana Saptah**

विज्ञान आनी तंत्रज्ञान राज्यमंत्री जितेंद्र सिंगा हाणी आयज नवी दिल्लींत साधना सप्तका खाला जायत्या मुखेल उपक्रमांची सुरवात केली, तातूंत UNNATI portal आनी कर्मयोगी कर्तव्य कार्यक्रमाची राष्ट्रीय प्रसारण करपाच्या आराखड्याचो आस्पाव आसा आस्पाव जाता.

मिशन कर्मयोगीन पांच वर्सां पुराय केल्यांत, नागरी सेवकांची क्षमता वाडोवपाच्या मळार म्हत्वाची प्रगती जाल्या अशें खाशेल्या अधिवेशनांत मार्गदर्शन करतना डॉ सिंग हांणी सांगलें

**JAN VISHWAS**

जन विश्वास विधेयक 2026, देशांत वेवसाय करपाक आनी जिणेंत सोपेपण वाडोवपाचे दिकेन म्हत्वाचें पावल थारलां. ह्या विधेयकांत 23 मंत्रालयांनी चलयल्ल्या 79 केंद्रीय कायद्यांतल्या 784 तरतुदींचो आस्पाव आसा. वेवसाय करपाक सोंपें जावचें म्हणून तरतुदीं व्हड प्रमाणांत गुन्यांवमुक्त केल्यात, जाल्यार हेर जायत्या तरतुदींत सोयी खातीर दुरुस्ती केल्या अशें कायदो आनी न्याय मंत्रालयाचे कायदो खात्याचे अतिरिक्त सचीव के.व्ही.कुमार हांणी नदरेक हाडलें.

**Global meditation conference**

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी आयज मनाची शांतताय आनी आत्मनिरीक्षण हांचे म्हत्व सांगून ध्यान हें समग्र सुस्थिती खातीर एक मुखेल साधन अशें सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या ध्यानाचे फुडाऱ्यांच्या जागतीक परिशदेंत मार्गदर्शन करताना ते उलयताले.

**Easter President/PM**

आयज संवसारभर इस्टर मनयतात, जेजू क्रिस्ताक गुड फ्रायडे दिसा कॅलव्हरींत खुर्सार मारल्या उपरांत ताच्या पुनरुथानाचो हो सुवाळो. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन, आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ह्या निमतान राष्ट्राक काळजा सावन परबीं भेटायल्यात.

इस्टराचो पवित्र दिस सगळ्यांच्या जिवितांत शांतताय, खोस, आनी परजळ हाडटा असो विस्वास प्रधानमंत्री मोदी हांणी उक्तायलो. जेजू क्रिस्ताची शिकवण दयाळपणाक प्रोत्साहन दिता आनी समाजांत एकठांय येवपाची भावना घट करता अशे तांणी आपल्या संदेशांत म्हाळा.

राष्ट्रपती मुर्मू हांणी नागरिकांक एकवट, शांतताय आनी भावपण हांचे विशीं आपली वचनबद्धताय नवीनीकरण करून बऱ्या फुडारा खातीर सामुहीकपणान वावुरपाचो उलो मारला.

आणि ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखवले प्रादेशिक खबरपात्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजेच्या ७ जावन २० मिनटांचेर. नमस्कार